प्रादेशिक खबरो ०४.१२.२०२५ @ ७.२५ am

जावडेकर १४०

म्हजे घर येवजण दर एकल्याच्या घरा मेरेन पावतली,आणि फुडले वेंचणुके मेरेन दर एकल्याच्या नावाचेर घर जातले, अशें उतर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिला. घर नावार जाल्यार विरोधकांच्या पोटात कित्याक दुखता हे विशीं विरोधकांक प्रचारावेळार जाप विचारपाचे आवाहन मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केले.खोर्ली मतदारसंघाचे उमेदवार सिद्धेश श्रीपाद नायक हांचे प्रचाराचो शुभारंभ मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी जालो. हे वेळार आमदार राजेश फळदेसाय, उमेदवार सिद्धेश श्रीपाद नायक आनी हेर कार्यकर्ते हाजीर आशिल्ले.राज्यात सध्या डबल इंजीन सरकार आसा. दोनूय जिल्हा पंचायतीचेर झेंडो लावन ते ट्रिपल इंजीन जावपाची गरज आसा. हाचे खातीर दर एकल्यान 20 डिसेंबराक भाजप उमेदवाराक मत मारचे, अशे आवाहन मुखेलमंत्र्यांनी  डॉ. प्रमोद सावंत हांणी केले. भारतीय जनता पक्षाचे फुडारी वा उमेदवार हे पयशें करपाक राजकारणात येवक ना. ते जनतेची सेवा करपाक आयल्या. हाका लागून गृह आदार, लाडली लक्ष्मी अशो कल्याणकारी येवजण्यो सुरू जाल्या. कल्याणकारी येवजण्यो नेटान चालीक लावपा सयत उदरगती खातीर भाजपाक मतदान करपाचे आवाहन मुखेलमंत्र्यांनी केले.

नेवी 30

आज भारतीय नौसेना दिस मनयतात.हे विशी नौदलाक उदेशून नौदल मुखेली एडमिरल दिनेश कुमार त्रीपाठी हानी आकाशवाणी वेल्यान संदेश  दिलो. देश प्रती नौदलाची निष्ठा आणि कर्तव्या विशिचो आभिमान ह्या विशी तानी संदेशात सांगळे

रश्मी/जावडेकर 160

पोरणे गोयात St. fransic xavier च्या फेस्त व्हडा भक्ती भावान मनय्ले गोयासयत संसारभरातल्या भाविकांनी व्हडा आकड्यान हाजेरी लायील्ली. ह्यावेळार ख्रिस्ती धर्माप्रमाण धर्मिक विधी सयत प्रार्थनेची मिसा जाली. ह्या वेळार गोंयां सयत सिंदुदुर्ग, बेळगाव, कोल्हापूर वाठारातल्या भाविकानी फेस्ताक हाजेरी लायली. ST fransic xavier चे फेस्त संसारभर गोंयच्या सायबाचे फेस्त म्हण फामाद आसा. ह्यावेळार ओक्सीलरी बिशप सिमियाओ फर्नांडीस ,गोंयचो आर्चबिशप कार्डिनल फिलीप नेरी फेराव, पोर्ट ब्लेअरचो बिशप-एमेरिटस ॲलेक्स डायस

आनी हेर पाद्री मिसाक आशील्ले.अंदूं सेंट फ्रांसिस झेवियराच्या नोवेना आनी फेस्त"विस्वास आमकां निराश करिना, देखून सेंट फ्रांसिस झेवियराच्या सारके आमी आशेचे यात्रेकरू जावया". ह्या संकल्पनेचेर आधारीत आशील्लो अशी म्हायती ह्यावेळार आर्चबीशप फीलीप नेरी फेर्राव हांणी दिली. दील्या.सैम साबाळात,ताची कुयदात घेयात.दोंगोर कापप,झाडा मारप,उदरगतीच्या नावान गरज नाशील्ले व्हड प्रकल्प,कोयराचो प्रस्न,उदक आनी वाऱ्याचे प्रदुशण, ह्या सगळ्याक लागुन सृश्टी पेड्यार जावपाक लागला. मोगान वागुन संसारातलो एकचार तिगोवन दवरया असोय संदेश मिसा वेळार दीलो. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव, पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे, आमदार विजय सरदेसाय, आदले मुखेलमंत्री चर्चील आलेमाव तशेच हेर मंत्री, फुडाऱ्यांनी फेस्ताक हाजेरी लायली.

७०

सरकारान संचार साथी ॲपाची वाडती स्वीकृताय मतींत घेवन मोबायल फोन निर्मात्यांनी हो ॲप प्री-इन्स्टॉल करप सक्तीचें ना अशें थारायलां. नागरिकांक खंयच्याय वेळार हो ॲप अनइन्स्टॉल करपाक मेळटा अशें सरकारान स्पश्ट केलां. हो ॲप सुरक्षीत आसा आनी ताचो हेत लोकांची सायबर गुन्यांवांतल्यान राखण कारप हो आसा
केंद्रीय संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी विरोधकांनी केल्ले हेरगिरीचे आरोप न्हयकारल्या आनी संचार साथी ॲपा वरवीं हेरगिरी करप शक्य ना अशें सांगलें.

गणेश 130

राज्यात मतदार पडताळणी मोहीमे खाला (98.75 टक्के मतदारांनी अर्ज करून सादर केल्या. आता मेरेन 11,70,267 अर्ज भरून सादर जाल्ल्याची म्हायती मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान दिली. मतदारांची फेरतपासणी करपा खातीर वेंचणूक आयोगान मतदार पडताळणी मोहीम सुरू केल्या. म्हायतीचे अर्ज सादर करपाची मुजत 11 डिसेंबर मेरेन वाडयल्या. हाका लागून अर्ज सादर करपाक आनी 7 दिस आसा. ही मोहीम 4 नोव्हेंबराक सुरू जाल्ली. वेंचणूक आयोगान बीएलओ मार्फत अर्ज वाटपाची वेवस्था केल्ली. सगळ्या मतदारा मेरेन अर्जांचे वांटप जालां. मुख्य वेचणूक अधिकारी कार्यालयान सगळ्या मतदारांक विनंती केल्या की ज्यांनी अजुन त्यांचे गणना फॉर्म सादर करूंक ना त्यांनी ते बेगीनात बेगीन करचे, गणना फॉर्म सादर करपाची निमणी तारीख ११दिसिम्बेर मेरेन वाड्यल्या . अधिक सोयी खातीर, मतदार त्यांचे गणना फॉर्मvoters.eci.gov.in या वेबसाइटर मतदार पोर्टलावरवी ऑनलाइनसादर करू शकतात.

खेळ ४५

अभिनव तेजराणा आनी कर्णधार सुयश प्रभुदेसाय हांच्या अर्दशतकांच्या नेटार गोंयान सैयद मुश्ताक अली टी-20 क्रिकेट सर्तीच्या लीग मॅचींत मध्य प्रदेशाक 7 विकेटींनी हारयलो.

गोय क्रिकेट संघटनेन  विजय मर्चंट 16 वर्सा सकायल्या क्रिकेट सर्तीखातीर गोंयचो पंगड जाहीर करून विनीत कामत हाका कर्णधार म्हणून वेंचून काडला.

हवामान३५

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान ३२.३ डिग्री  सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणे  तापमान २१.८  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें उरपा संयत काय प्रमाणात धुकें पाताळपाची शक्यताय आसा